## मनोहर पर्रीकर गोंय स्कॉलर्स येवजणेखाला अर्ज मागयल्यात

ता. 21 नोव्हेंबर 2023

मनोहर पर्रीकर गोंय स्कॉलर येवजण 2018 खाला 2023-24 शिक्षणीक वर्सा खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयल्यात. जांचे कडेन उत्कृश्ट वेव्हार कुशळटाय आनी बौध्दीक गुणवत्ता आसा आनी फुडल्या दशकांनी राज्य/देशाक/संवसाराक प्रभावी सेवा दितले म्हणपाची खात्री दिवपी गुणवान विद्यार्थ्यांक पदव्युत्तर आनी डॉक्टरेट अभ्याक्रम शिकपाखातीर शिश्यवृत्ती दितले. निवडक उमेदवारांनी देशात वा विदेशात नामनेक पाविल्ल्या संस्थेत/विद्यापिठात पदव्युत्तर वा डॉक्टरेट अभ्याक्रमाक प्रवेश घेतिल्लो आसपाक जाय.

मनोहर पर्रीकर गोंय स्कॉलर येवजणेच्या निवड प्रक्रियेचो तपशील आनी अर्ज फॉर्मा खातीरचो लिंक http://www.dhe.goa.gov.in. चेर उपलब्ध आसा. इत्सुक आनी पात्र अर्जदारांनी उच्च शिक्षण खात्याच्या वेबसायटीचेर भेट दिवन "Application form for Manohar Parrikar Goa Scholars Scheme 2023-24" क्लिक करून उपलब्ध अर्ज ऑनलायन भरचो.

2023-24 शिक्षणीक वर्सा खातीर पदव्युत्तर वा डॉक्टरेट अभ्याक्रम प्रवेशाची खात्री जाल्लो/शिकपी खंयचोय उमेदवार येवजणे खातीर अर्ज करपाक शकता. ऑनलायन अर्ज करपाची सुविधा 24 नोव्हेंबर 2023, दनपारां 12.00 वरां सावन ते 15 जानेवारी 2024 सांजेची 5.00 वरां मेरेन उपलब्ध आसतली.

गोंय स्कॉलर्स म्हुण 30 प्रतिभावंतांची निवड केल्या. आदले मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकर हांची संकल्पना आशिल्ली गोंय सरकाराची गोंय स्कॉलर येवजण उच्च शिक्षण संचालनालयावतीन राबयतात. गोंयांतल्या गुणेस्त आनी प्रतिभावंत विद्यार्थ्यांक वळखवप, तांकां भारत आनी विदेशांतलीं नामनेचीं विद्यापिठां आनी उच्च शिक्षण संस्थांनी पदव्युत्तर आनी विद्यावाचस्पती पदवेचो अभ्यास करपाक उर्बा दिवप हो हे येवजणेचो उद्देश आसा.

2020-21 शिक्षणीक वर्सा खातीर ह्या येवजणे खाल 160 विद्यार्थ्यांनी अर्ज केल्ले. निवड समितीन 30 पात्र विद्यार्थ्यांची निवड केल्या. निवड जाल्ल्या गोंय स्कॉलरां मदीं संगणक विज्ञान, वागणूक आनी ज्ञान आकलन न्युरोसायन्स, अभियांत्रिकी, भौतीक शास्त्र, वेवस्थापन, सांखिकी, वैजकी तंत्रज्ञान, रसायनशास्त्र, मायक्रोबायलोजी, फार्मास्युटिकल, लिंग्विस्टिक, गव्हर्नन्स आनी लोक धोरण अशां अभ्यासक्रमांच्या विद्यार्थ्यांचो आसपाव आसा. निवडक उमेदवारांनी देशात वा विदेशात नामनेक पाविल्ल्या संस्थेत/विद्यापिठात

ऑनलायन अर्ज सुपुर्द केल्या उपरांत उमेदवाराक ई-मेलासयत तपशील धाडटले. ह्या ई-मेलाची प्रिंट/हार्ड कॉपी अर्जदाराचो पासपोर्ट आकाराचो फोटो लावन आवश्यक दाखले/प्रमाणपत्रांच्यो स्वता प्रमाणित प्रती संचालनालयाच्या कचेरेक (उच्च शिक्षण संचालनालय, नवी एससीईआरटी बिल्डिंग, आल्त पर्वरी) 15 फेब्रुवारी 2024 मेरेन स्पिड पास्ट/स्वता सुपुर्द करच्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/896

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.